C-S(M)09

№ 000183

D-DTN-J-LPB

# KONKANI

## Paper II

## (Literature)

*Time Allowed : Three Hours* | *Maximum Marks : 300*

---

***INSTRUCTIONS***

***Candidates should attempt questions 1 and 5 which are compulsory, and any THREE of the remaining questions, selecting at least ONE question from each Section.***

***The number of marks carried by each question is indicated at the end of the question.***

***Answers must be written in Konkani.***

---

## SECTION A

1. सकला दिल्ल्या खंयच्याय ***तीन*** उताऱ्यांची संदर्भासयत फोडणिशी करात. दर अेकाची जाप 200 उतरां भितर मर्यादीत आसची. *20×3=60*

(क) "... आतां जो मज्या रूपा सारिखो पुरूस मेळत तो हांव दादुलो करतलीं." एशें तिणें बोलूनु आपुल्या सहिन्या सवर्तमान ती वचूंक वतां, तंव त्या रायान त्या दुसऱ्या रायाक बोलिलें, "तुमी आमी हे कन्येक व्हारडिक न्हांवक बोलिलें. ही कन्या आमकां तंव वरि ना."

(ख) "... आमच्या स्वामया जेझु क्रिस्तान आमकां सैतानाच्या बटिकपणांतुले सोडौंवच्याक उधंड कश्ट संवसारांव सोंशिले, क्रुसावरि थोरि घाशी अपदेन आपुलो प्राणु दिलो, मेलो, आपुल्या मरणान अखंडित मरणान अखंडित मरण जें आमकां आमच्या पातकां पासावत भोगतलें आशिल्लें, तें जेझु स्वामयान निवारिलें, आमचे वारये आपुल्या मरणा वा रगताच्या पुण्यान, सत्यवंता बापाक पुरें फारिक वा परिहोर केलें ..."

(ग) "भाशे वरवीं अेक आवय आपले उंटयेतल्या भुरग्याच्या काळजांत आपलो मोग शिरयता, अेक भयण आपुल्या पांयण्यांतल्या भावाच्या, अेक भाव आपल्या खेळाच्या सांगात्याच्या; आनी हो मोग वच खूंय, तुजें पोट वो तुजी खोशी व्हरत थूंय कदीं कोणाच्यान काडूं नजो ..."

(घ) "... कोंकणीक आपली हक्काची सुवात मेळूंक जाय, जर ती पुराय रीतीन आनी मेकळीकेन फुलतली आनी फळटली जाल्यार. ते खातीर तिका केंद्र आनी राज्य सरकारांचें पूर्ण फाटबळ आनी नेटाळ तेंको मेळपाची चड गरज आसा. तो तेंको मेळटलो म्हणपाची आमी आशा धरूं येता आनी ते पास्वत आमकां पेंकट बांदून गंभीरतायेन वावुरचें पडटलें-अशें जाल्यार आयज कोंकणी सरस्पतींत जें पुनरूत्थानाचें नेटाचेंल्हार आयलां ताचेर बसून ती वैभवाक पावतली. तशें जांव आनी ताचे वरवीं आमच्या लोकाची घसघशीत उदरगत घडोवन येवूं म्हणपाची खतखतीत आस्त बाळगुंया."

2. कोंकणीच्या पोरण्या क्रिस्ती-धर्मप्रसारकांनीतयार-केल्ल्या सतराव्या शेंकड्यांतल्या साअित्याचो आपरोस सांगपाचो येत्न करात. *60*

3. "ओत्मो देंवचाराक", ह्या आ. वि. दक्रूजांले कोंकणी कादंबरीचो साअित्यीक नदरेन नियाळ करात. *60*

4. "वज्रलिखणी", ह्या शणै गोंयबाबा बरोवपां संकलनांतल्यान, बरोवप्याचें कोंकणी खातीर दिल्लें साअित्यीक, समाजीक आनी संस्कृतीक योगदान थोडया भितर सांगात. *60*

## SECTION B

5. सकला दिल्ल्या खंयच्याय ***तीन*** उताऱ्यांची संदर्भासयत फोडणिशी करात. दर अेकाची जाप 200 उतरां भितर मर्यादीत आसची. *20×3=60*

(क) "जाणें रसतळावनु
मत्स्य रूपें आणयेलें,
तो संसार-सागर तारणु
मोहो तो,
राखो नारायणु."

(ख) "... म्होंवान भल्ले फुलां-गळे,
हरयाळेक फुटले दोळे ।
अकस्मात अमृताचें
गीत सुचलें भोंवरा ।"

(ग) "... तेदना देस-पुतान
खोश्येच्या उमाळ्यान
वळखलें गोप आपले आवय-भूंयचें
हेंच म्हुण तें गोंय अपुर्बायेचें
वैकुंठ ह्या संवसारांतलें ..."

(घ) "... सोम्या म्हज्या, दिलेंय ताबेन
सोबीत सुंदर माणीक
पडलें ताचेर काळीज म्हजें
विसरलीं हांव तें म्हण तुजें
वेगींच मागलीय काणीक ..."

6. एदुआर्दु ब्रून द सौजान बरयल्ल्या 'एव आनी मरी' हे म्हाकाव्या धरतीची मोलावणी करात. 60

7. डॉ. र. वि. पंडितांनी संपादिल्ल्या "रत्नांहार" प्रतिनिधीक काव्य-झेल्यांतल्या कोंकणी कवितेचें अर्विल्लें रूप कितलें-शें दोळयां मुखार भरून येता तें दाखोवपाचो प्रयत्न करात. 60

8. 'आब्रांवांचे यज्ञदान', ह्या खंड-काव्याचें साअित्यीक नदरेन निरिक्षण करात. 60